13.02.2026 सकाळी 7.25 वरां

आकाशवाणी पणजी केंद्र - प्रादेशिक खबरा विभाग

प्रादेशिक खबरो

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोद सावंत हांणी मोपाच्या मनोहर आंतरराष्ट्रीय विमानतळार स्थापन केल्ल्या रेसिंग सर्किटाक भेट दिवन 14 आनी 15 फेब्रुवारीक आयोजीत केल्लया एफ 4 इंडियन चॅम्पियनशिपा खातीर चालील्ला तयारेचो प्रत्यक्ष भेट दींवन नियाळ घेतलो. ह्या वेळार मुखेलमंत्री सावंत हाणी वरिश्ठ सरकारी अधिकारी आनी रेसिंग प्रमोशन्स प्रायव्हेट लिमिटेड कार्यावळीचे आयोजक तशेंच कंपनीचे प्रतिनिधी वांगडा कार्यकारी वेवस्थेचो नियाळ घेतलो. 14 आनी 15 फेब्रुवारी 2026 दिसा जावपी दोन दिसांच्या मोटारस्पोर्ट सर्तीच्या जाल्ले तयारीचेर तांणी समाधान उक्तायलें. आंतरराश्ट्रीय मोटार खेळां खातीर गोंयाक येजमानकी दिवप हें एक व्हड पावल. ह्या कार्यावळींतल्यान पर्यटनाक आणि खेळां संस्कृतायेक चालना मेळटली, राज्यांत रोजगाराची संद निर्माण जातली अशी आस्त मुखेलमंत्र्यानी उकतायल्या.

राष्ट्रीय एकत्रीत ऑन्कोलॉजी परिशद काल आनी आयज एक्ट्रेक-टाटा मेमोरियल सेंटर, नवी मुंबय हांगा केल्या. आयुश मंत्रालयाच्या आदारान आनी सीसीआरएएसच्या सहकार्यान ही परिशद घडोवन हाडटात. तीन दीसाच्या ह्या परिशदेंत दोतोर, संशोधक आनी धोरण निर्माते एकठांय येवन एकत्रीत कॅन्सर उपचाराची चौकटी, क्लिनीकल संशोधन आनी भलायकी धोरणां हांचेर चर्चा करतले अशी म्हायती तांणी दील्या. - बाय्ट

दाबोळे विमानतळ नौदळ ताब्यात घेवचो ना वा विमानतळ बंद जावचो ना, हाची खात्री आशिल्ल्याचे येरादारी मंत्री मॉविन गुदिन्हो हांणी स्पश्ट केलां.विरोधी पक्षांनी हुस्को उक्तायल्या उपरांत तांणी हे स्पश्टीकरण दिले. दाबोळी विमानतळ बंद जातलो, अशी चर्चा राज्यात सुरू जाल्या. दाबोळी विमानतळ नौदळान ताब्यात घेवचो म्हूण जीएमआर कंपनी चेपाण हाडटा. ही गजाल कळ्या उपरांत गोंयांत मुखेलमंत्री डॉ.

प्रमोद सावंत हांचे सयत हांवे संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांची भेट घेवन चर्चा केली. ताचेर विमान येरादारी सुरूच उरतली, अशें आश्वासन संरक्षण मंत्र्यांनी दिल्याचे गुदिन्हो हांणी सांगलें.

एक राज्य म्हण, आम्ही टेलिमानस, जिल्लो मानसिक भलायकी कार्यावळ आणि मानसोपचार आणि मानवी वर्तन संस्था हांच्यातल्या अखंड समन्वयाच्या आधारार, प्रत्येक प्राथमिक भलायकी केंद्रात IMPRESS कार्यावळीवरवी एक निर्णायक पावल उबरला अशे भलायकी मंत्री विश्वजित राणे हाणी सांगले. - बाय्ट

आयज संवसारीक रेडिओ दीस मनयतात. १९४६ वर्सा संयुक्त राष्ट्र संघटनेच्या रेडियोची थापणूक जाल्ल्याच्या उगडासाक दर वसाां १३ फेब्रुवारीक हो दीस मनयतात. "रेडियो आनी कृत्रीम बुद्धीमत्ता: एआय एक साधन, आवाज न्हय' असो ह्या वर्साचो विशय आसा.

दक्षिण गोंय जिल्लो प्रशासनान रस्त्यार माल विकपी आनी भीक मागपी लहान भुरगीं सोदून काडपा खातीर आनी तांचे पुनर्वसन करपा खातीर एक व्यापक मोहीम सुरू करपाचो निर्णय घेतला. हे विशीं चर्चा करपा खातीर अतिरिक्त जिल्होधिकारी रमेश गांवकार हांच्या अध्यक्षते खाला मडगाव हांगा बसका जाली.

गोंय विधानमंडळ सचिवालयान गोंय विधिमंडळ मंचाच्या समन्वयान 13 ते 21 फेब्रुवारी 2026 मेरेन PAC/PUC हॉल, विधानसभा संकुल, पर्वरी हांगा 2025-26 च्या विद्यार्थी संसद सर्तीचे आयोजन केला.

चिन्मय मिशन संस्थेच्या 75व्या वर्साच्या उत्सवा निमतान अमृत महोत्सवी वर्साचे वेगवेगळे कार्यावळी आखल्यात. हांतुत देश पांवडयार चिन्मय अमृत वाहिनी ही बस भोवंडी भारतभर 295 दिसांनी 35000 किमी प्रवास करतली.

पणजी वेधशाळेन नोंद केल्या प्रमाण पणजेत चडात चड तापमान 33.6 डिग्री सेल्सिअस जाल्यार उण्यात उणे 21.5 डिग्री सेल्सिअस नोंद जाला.